**राज्यपाला हस्तुकीं ऑर्चिड पॉलिहाऊसाचे उक्तावण**

ता. 23 नोव्हेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी हालीच राजभवन वांठारांत ऑर्चिड पॉलिहाऊसाचे उक्तावण केले. ह्या पॉलिहाऊसात डॅन्ड्रोबीयन आनी मोकारा हब्रीड ह्या दोन लोकप्रिय जातीची ऑर्चिड फुलझाडां रोयल्यात. ह्या पॉलिहाऊसात 1,300 ऑर्चिड रोपां लायिल्ली आसात.

राजभवन वांठार वनस्पत संपत्तीन समृध्द आसून राजभवन प्रशासन रान आनी पर्यावरणाची योग्य काळजी घेता. ह्या वर्सा वनमहोत्सव काळांत राजभवन वांठारांत 500 फळझाडां रोयली. तशेंच प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या 71 व्या वाडदिसानिमतान 71 आयुर पणसाची झाडां रोयली. ऑर्चिड पॉलिहाऊसातल्यान राजभवनातली फुलांची गरज भागतली तशेंच राजभवन दर्शनावेळार पर्यटकांचेय आकर्शण थारतले.

राजभवनातले पॉलिहाऊस कृशी संचालनालय आनी गोंय बागायत म्हामंडळाच्या सहकार्यान विकसीत केला. ऑर्चिड पॉलिहाऊसाचे उक्तावण राज्यपालांचे सचीव श्री. मिहिर वर्धन, कृशी संचालक नेविल आल्फोन्सो आनी गोंय बागायत म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक संदीप फळदेसाय हांच्या उपस्थितीत जाले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/983

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji